# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# राजकुंवर गोठाणी जाता


बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- M. Maillot; Lazarus Alastair Paterson

बानून घेवपी :- E. Frischbutter; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org



©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.


देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.





एक दीस मोयजेसान एका इजिप्तांतल्या मनशाक, एका हिब्रू गुलामाक मारताना पळेलो. मोयजेस फारोच्या राजवाड्यांत राजकुंवर म्हणून वाडलो आनी शिकिल्लो आसलो तरी तोय हिब्रू आशिल्लो. ताका गुलामाक आदार करचो पडलो.


कोण पळयना हाची खात्री करपाक भोंवतणी नदर मारून, मोयजेसान वायट गुलाम मालकाचेर हल्लो केलो. उपरांत जाल्ल्या झुजांत मोयजेसान इजिप्तांतल्या मनशाक मारलो. बेगीन ताणें मडें पुरलें.
3


दुसऱ्या दिसा मोयजेसान दोन हिब्रू झगडटात तें पळयलें. ताणें तांकां आडावपाचो यतन केलो. एकल्यान म्हणलें, “तुवें इजिप्ताच्या मनशाक मारलो तसो म्हाका मारतलो?” मोयजेस भियेलो. कालची गजाल सगळयांक खबर आशिल्ली. फारोक खबर आशिल्लें. मोयजेसाक पळून वचचें पडलें. तो मिडियान नांवाच्या देशांत गेलो.
4


मोयजेस एका बांयच्या कुशीक आराम करताना, मिद्यानाच्या याजकाच्यो सात धुवांनी आपल्या बापायच्या मेंद्रांक उदक दिवपाक खळयो भरल्यो.
5


हेर गोठाण्यांनी तांकां कुशीक काडपाचो यतन केलो. मोयजेसान बायलांक राखण दिली आनी तांकां आदार केलो.
6


“तुमी बेगीन घरा पावल्यात!” रेयुएल, चलयांच्या बापायन उलो मारलो.. चल्यांनी कित्याक तें सांगलें तेन्ना ताणें म्हणलें, “त्या मनशाक हांगा हाड.” मोयजेस रेवेल हाचे वांगडा रावतालो, ताका जेथ्रोय म्हणटाले.
उपरांत मोयजेसाचें लग्न रेवेलाचे व्हडले चलयेकडेन जालें.
7


परत इजिप्तांत फारोक मरण आयलें. देवाचे लोक म्हळयार हिब्रू लोक अजूनय गुलाम आशिल्ले. आपल्या दुखांत ते कशे रडले!
तांणी देवाच्या आदाराक मागणें केलें! देवान तांचीं प्रार्थना आयकली.
8


मोयजेसाक तें कळ्ळें ना, पूण देवान ताचो उपेग गुलाम जाल्ल्या हिब्रू लोकांक मजत करुंक थारायल्लें. मोयजेस इजिप्त सोडून गेले उपरांत चाळीस वर्सां जालीं. तो रेवेलाच्या कळपाचो गोठाण आशिल्लो. पूण ताका इजिप्तांतल्या आपल्याच
लोकांची याद आयली आसूंक जाय.
9
एक दीस मोयजेसाक लागसारच्या झाडाक उजो लागला अशें दिसलें. पूण उज्यान झाड लासलें ना. कित्याक तें सोदून काडपाचें मोयजेसान थारायलें.
10
मोयजेस लागीं पावतकच देवान ताका झाडा थावन आपयलो. “मोयजेस!” “हांगा हांव आसां” मोयजेसान म्हणलें. “चड लागीं वचूं नाका” देवान म्हणलें. “तुमचीं चप्पलां काड, कारण तुमी उबे आसात ती सुवात पवित्र जमीन.”
11
“म्हज्या लोकांक इजिप्तांतल्यान भायर काडपाक हांव तुका फारो कडेन धाडटलो” अशें देवान सांगलें. पूण मोयजेस वचपाक भियेलो.
12
मागीर देवान मोयजेसाक आपले व्हड बळ दाखयलें. ताणें मोयजेसाचें दांड्याक सर्पांत रुपांतरीत केलो.
13
मोयजेसान सरपाक शेंपडी धरून उखललो तेन्ना तो आनीक एक फावट दंड जालो. देवान आनीक एक चिन्न केली.
14


“तुज्या छातीचेर हात दवर” ताणें आदन्या
केली. मोयजेसान तशें केलें.
ताचो हात कुश्ठरोगान
धवो जालो.
15


परत केलो तेन्ना ताचो हात बरो जालो.
16


मोयजेसान अजूनय हरकत घेतली. “हांव बरें उलयना”
ताणें देवा कडेन सांगलें. देवाक राग आयलो. “तुमी
सांगिल्लीं उतरां उलोवपाक, हांव तुजो भाव एरोनाक
वापरतलों” ताणें सांगलें.
17


मोयजेस जेथ्रोक परतलो, आपलीं वस्तू
एकठांय करून इजिप्ताक गेलो.
18


देवान मोयजेसाचो भाव एरोनाक दोंगरांत मोयजेसाक
मेळोवंक व्हेलो. हिब्रू लोकांक इजिप्तांतल्या
लोकां कडल्यान मुकत करपाची
देवाची येवजण मोयजेसान एरोनाक
सांगली. तांणी मेळून ही खबर हिब्रू
फुडाऱ्यां मेरेन पावयली. मोयजेसान
हिब्रू वडिलाक चिन्नां
दाखयलीं तेन्नां तांकां
कळ्ळें की देव तांकां
आदार करतलो.
एकठांय, तांणी
आराधना
प्रणाम केलीं.
19


धाडसीपणान, मोयजेस आनी आरोन फारो
कडेन गेले. “देव म्हणटा, ‘म्हज्या लोकांक
सोड’” तांणी ताका सांगलें.
20






राजकुंवर गोठाणी जाता

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

निसर्ग २-५

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130






10 60



हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरसार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16